**ठराविक उत्सवांच्या  दिसांनी लाउडस्पीकराचो वापर करपाक परवानगी**

ता. 7 एप्रिल  2026

पर्यावरण आनी हवामान बदल खात्यान 2026 वर्साच्या काळांत पुराय गोंय राज्यांत ठराविक सांस्कृतीक आनी धार्मिक उत्सवांच्या  दिसांनी रातची 10.00 ते 12.00 मजगती लाउडस्पीकर वा साउंड सिस्टमाचो वापर करपाक परवानगी दिल्या.

15 आनी 18 सप्टेंबर  गणेश चतुर्थी (मूर्ती विसर्जनाचो  दुसरो दीस आनी पाचवो दीस), 24 सप्टेंबर अनंत चतुर्दशी, 26 ऑक्टोबर नवरात्रां (नवरात्रांचो निमाणो दीस ), 7 नोव्हेंबर दिवाळीची पूर्वसांज, 24 ते 31 डिसेंबर 2026 मेरेन नातलांची पूर्वसांज ते नवीन वर्साची पूर्वसांज ह्या दिसांनी वयल्या वेळा मेरन लाउडस्पीकर वा साउंड सिस्टमाचो वापर करपाक परवानगी आसतली.

परवानगी दितना नेमांक पाळो दिवपाची अट आसतली.  संबंदीत ग्रामपंचायत, महानगरपालिका/नगरपालिका वा राज्यांतल्या खंयच्याय व्यक्तीन केल्ल्या अर्जाची तपासणी जातली. तशेंच संबदीत 'अधिकारी' परवानगी दिल्ल्या उत्सवाच्या आनी हेर प्रसंगार आवाजाच्या पातळीचे निरीक्षण करतले.  अटींचे उल्लंघन जाल्यार कारवाय जातली.

म्हा /सप/   / विगां/ 2026/234

--

------------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.